मुखेल खबरीः

- पीएम-सूर्य घर-मुफ्त बिजली येवजणे खाला आदर्श सौर गांवाची अमलबजावणी करपा खातीर सरकारान कार्यकारी मार्गदर्शक तत्वां जारी केल्यांत.
- केंद्रीय धरमंत्री अमित शाह आयज सांजे अहमदाबादेत तिरंगा यात्रेक पाचवो बावटो दाखयतले.
- इराणचे उपराष्ट्रपती मोहम्मद जावद झरीफ हांणी नियुक्ती जाल्या उपरांत फकत दिसांतूच दिलो राजीनामो. 11
- जम्मू-काश्मीर पुलिसांनी आतकवाद्यांच्या णव सहकाऱ्यांक अटक केल्या.
- म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयान प्रसारण सेवा (नियमन) विधेयकाच्या मसुद्याचेर टिप्पणी आनी सुचोवण्यो मेळपाचो वेळ अंदू 15 ऑक्टोबर मेरेन वाडयला आनी सविस्तर सल्लामसलती उपरांत कायद्याचो नवो मसुदो उजवाडायतले अशें सांगलां.
- उदेंताक येवपी थळाव्या खेळगड्यांक नामनेच्या क्रिकेट खेळगड्यां वांगडा ⑤ खेळपाची संद दिवपाच्या हेतान सुरु केल्ल्या टी-20 च्या बिग क्रिकेट लीगान राष्ट्रीय प्रसारक प्रसार भारती कडेन इतिहासीक दीर्घकालीन कबलात केल्या.

STORY

म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयान प्रसारण सेवा (नियमन) विधेयकाच्या मसुद्याचेर टिप्पणी आनी सुचोवण्यो मेळोवपाची मुजत अंदू 15 ऑक्टोबर मेरेन वाडयला आनी सविस्तर सल्लामसलती उपरांत कायद्याचो नवो मसुदो उजवाडायतले अशें सांगलां. भागधारक आनी सामान्य लोकांच्या टिप्पण्यां मेळोवपाखातीर स्पश्टीकरणात्मक टिपां सयत फाटल्या वर्सा नोव्हेंबरांत विधेयकाचो मसुदो भौशीक मळार दवरला., विधेयकाच्या मसुद्याचेर वेगवेगळ्या संघटनां सयत जायत्यो शिफारशी, टिप्पणी आनी सुचोवण्यो दिल्यात अशे मंत्रालयान सांगला. विधेयकाच्या मसुद्याचेर भागधारकां कडेन सल्लामसलतीची माळ सुरू आसा.

STORY

पीएम-सूर्य घर-मुफ्त बिजली येवजणे खाला आदर्श सौर गांवाची अंमलबजावणी करपा खातीर सरकारान कार्यकारी मार्गदर्शक तत्वां जारी केल्यांत. हे येवजणे खाला देशभरांतल्या दर जिल्हयात एक आदर्श सौर गांव तयार करपाचेर भर दिला अशे नव्या आनी नवीकरणीय उर्जा मंत्रालयान काल दिल्ल्या निवेदनांत म्हणलां. ह्या येवजने खातीर वह 800 कोटी रुपयांची अर्थीक तरतूद आसा अशें मंत्रालयान सांगला.

STORY

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह आयज सांजवेळार अहमदाबादांत तिरंगा. यात्रेक पांचवो बावटो दितले. गुजराताचे मुखेलमंत्री भूपेंद्र पटेल हेय ह्या यात्रेत वांटो घेतले. हर घर तिरंगा मोहिमेक लागून उदैत अहमदाबादांतल्या विराट नगर वाठारांतले अहमदाबाद पालिका म्हामंडळ ही यात्रा घडोवन हाडटा. लोकांमजगती एकचार आनी राश्ट्रीय अभिमान वाडोवप हो ह्या यात्राचो हेत आसा. हे यात्रेत व्हड प्रमाणांत लोक वांटो घेवपाचे आसात.

STORY

मध्य प्रदेश सरकारान सगल्या शारी संस्थांच्या वेचून आयिल्ल्या भौशीक प्रतिनिधींच्या मानधनांत 20 टक्क्यांनी वाड करपाची घोशणा केल्या. फुडल्या म्हयन्या सावन सगल्या महापौरांक, अध्यक्षांक, उपनगराध्यक्षांक, आनी नगरसेवकांक हे वाडीचो फायदो जातलो अशें मुखेलमंत्री मोहन यादव हांणी सांगलें. काल भोपाळांत जाल्ले देवी अहिल्याबाई होळकार बायलां भौशीक प्रतिनिधी परिशदेंत ते उलोवप करताले.

शारांतल्या संस्थांक अर्थीक नदरेन आत्मनिर्भर जावपाक मजत करपा खातीर खाशेले प्रोत्साहन दितले असोय उल्लेख मुखेलमंत्र्यांनी केला. आपल्या विभागांत कर आनी शुल्का वरवीं स्वताची येणावळ सगळ्यांत चड वाडयता त्या पालिकेक वर्मुकी 2 कोटी रुपया आनी नगरपालिका मंडळाक दर वर्सा प्रोत्साहन म्हणून 5 कोटी रुपया

मेळटले अशें मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें, ही रक्कम भौशीक प्रतिनिधीनी शिफारस केल्ल्या मुळाव्या साधनसुविधा कामां खातीर नगरसेवक निधी म्हणून वापरतले.

पालिका म्हामंडळाच्या मेयर खातीर मानधन 22 हजारां वयल्यान 26 हजार 400 रुपया मेरेन वाडटलें. उपाध्यक्षाचे मानधन 18 हजारां वयल्यान 21 हजार 600 रुपया मेरेन वाडटले, आनी नगरसेवकाचे मानधन म्हयन्याक 12 हजारां वयल्यान 14 हजार 400 रुपया मेरेन वाडटले.

STORY

इराणचे उपराष्ट्रपती मोहम्मद जावद जरीफ हांणी नेमणुके उपरांत फकत 11 दिसांनी आपल्या पदा वयल्यान राजिनामो दिला. नव्या इराणी प्रशासनाच्या मंत्रीमंडळ वांगड्यांची निवड करपा खातीर सुचालन मंडळाचो मुखेली म्हणून केल्ल्या वावराच्या परिणामाचेर आपूण समाधानी ना, अशें जरीफ हाणी सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत सांगला नेमणूक केल्ल्या 19 मंत्र्यां मदले उण्यांत उणे सात मंत्री ताची पयली निवड नाशिल्ली अशे तांणी स्प्ष्ट केले.

ताचो निर्णय इराणचे राष्ट्रपती मसूद पेजेशकियनाचेर पश्चाताप वा निराशेची चिन्न न्हय, तर रणनितीक वेव्हारा खातीर उपराष्ट्रपती म्हणून ताची उपेगशीलताय हाचेर दुबाव आसा असो संकेत आसा अशें जरीफ हांणी सांगलें. वैचणुकेच्या प्रचारावेळार पेझेशकियन हाणी सांगला तेजेर आपणाक विश्वास आसा अशे सांगून तांणी इराणी लोकांक नवे राष्ट्रपती आनी ताच्या प्रशासनाक तेंको दित रावपाचो उलो मारलो.

1 ऑगस्टाक आयिल्ल्या फरमानांत इराणी अध्यक्षान जरीफाक रणनिती वेव्हारा खातीर उपराष्ट्रपती आनी रणनितीक अभ्यास केंद्राचो मुखेली म्हणून नेमणूक केली. जरीफ हाणी 2013 ते 2021 मेरेन आदलो राष्ट्राध्यक्ष हसन रुहानीच्या काळांत इराणाचो विदेश वेव्हार मंत्री म्हणून काम केला.

STORY

1 एप्रील ते 11 ऑगस्ट मेरेन वह प्रत्यक्ष कर वसुली फाटल्या वर्साच्या त्याच काळा परस 23.99 टक्क्यांनी वाडून 8.13 लाख कोटी रुपया जाल्या. फाटल्या वर्साच्या

ह्याच काळांत 6.55 लाख कोटी रुपया वसुली जाल्ल्याचें आयकर खात्यान सांगलां. निव्वळ वसुली 6.93 लाख कोटी रुपया जाल्ल्यान 22.48 टक्क्यांनी वाड जाल्या.

STORY

भारतीय रेल्वे कॅटरिंग आनी पर्यटन म्हामंडळ (आयआरसीटीसी) आनी राष्ट्रीय राजधानी प्रदेश येरादारी म्हामंडळ (एनसीआरटीसी) हांणी जोडपालवान भारतीय रेल्वे आनी नमो भारत रेल्वेंतल्या प्रवाशांचे प्रवास सोय वाडोवपा खातीर 'वन इंडिया-वन तिकेट' उपक्रम सुरू केला. तातूंत प्रवाशांक आयआरसीटीसी प्लॅटफॉर्मांतल्यान नमो भारताची तिकीट बुक करपाक मेळटली, तशेच रद्द करप सोपे जातले. प्रवाशांनी नमो भारत रेल्वेचे तिकीट घेवपाखातीर खातीर खाशेलो क्यूआर कोड तयार करपाक मेळटलो अशें आयआरसीटीसीन निवेदनांत म्हणलां. प्रवास तारखेच्या पर्याया भोंवतणी 4 दिसां खातीर कोड वैध आसतलो. सध्याच्या रेल्वे आरक्षण जनेला प्रमाण नमो भारताची तिकीट 120 दिसां मेरेन बुक करूं येता.

STORY

कर्मचारी प्रॉव्हिडंट फंड संघटना (ईपीएफओ) आयज 'ईपीएफ हस्तांतरण'चेर आपलें 5वें लायव्ह सत्र घडोवन हाडटा. वांगड्यांक आनी पेन्शनधारकांक साबार सेवां विशीं शिक्षण दिवपाचो सत्राचो हेतू आसा. ईपीएफओच्या अधिकृत सोशल मिडिया प्लॅटफॉर्माचेर लायव्ह सत्र प्रसारीत जातलें. ह्या सत्रांत ईपीएफ हस्तांतरणाचें म्हत्व, ताची प्रक्रिया, आनी भाग घेवप्यांच्या प्रस्नांक तज्ञ जाप दितले, अशें कामगार आनी रोजगार मंत्रालयान आपल्या निवेदनांत म्हणलां परस्पर संवादात्मक सत्रांत मोलादीक अंतर्दृष्टी दिवप, ईपीएफ वांगड्यांच्यो प्रस्न सुटावे करप, वांगडी आनी पेन्शनधारकांक जिणेची सोय सुनिश्चीत करप असो आसा.

STORY

जर ठेवीदारान वैजकी खर्च वा सैमीक संकश्टा सारकिल्या आणीबाणीचो उल्लेख करून पयशे काडपाची मागणी केल्या जाल्यार, पयल्या तीन म्हयन्यां भितर ठेवी रक्कमेची शंबर टक्के परत करची अशें रिझर्व्ह बँकेन बिगर बँकींग अर्थीक कंपनींक एनबीएफसींक निर्देश दिल्यात. अशा परिस्थितीत ठेवी काडल्यार कसलेंच व्याज दिवचें ना अशें रिझर्व्ह बँकेन ह्या निवेदनांत म्हणलां.

हेर खंयच्याय कारणाक लागून ठेवी काडपाची इत्सा आसल्यार एनबीएफसींक कसलेंच व्याज भरनासतना ठेवी 50 टक्के फारीक करूंक मेळटा. मुळाव्या रक्कमेच्या 50 टक्के वा 5 लाख रुपया, जें उणें आसतलें तें वेळा पयलींच फारीक करूंक मेळतले अशें तातूंत जोडलां. ठेवीची मुजत पुराय जावचे 14 दिस पयली ठेवीदारांक काळोवचें करचें अशें रिसर्व बँकेन फुडें एनबीएफसींक सांगलां. हे बदल 1 जानेवारी 2025 सावन लागू जातले.

घरांक फायनान्स करपी कंपनीं आनी एनबीएफसी खातीर नेम सुसंगत करपा खातीर नियाळ घेतले उपरांत, सगल्या डिपॉझिट घेवपी हाउसिंग फायनान्स कंपनींनी सध्याचे 13 टक्क्यां परस भौशीक ठेवींच्या 15 टक्के प्रमाणांतliquid assets सांबाळची पडटली अशें रिझर्व्ह बँकेनं सांगलां. ते भायर, हौसिंग फायनान्स कंपन्यांनी तांणी मान्य केल्ल्या भौशीक ठेवीं खातीर पुराय मालमत्ता कव्हर उपलब्ध आसा हाची खात्री करची अशें रिझर्व्ह बँकेनं फुडें सांगलां. ह्या कंपनीक वर्साक उण्यांत उणें एक फावट क्रेडीट रेटिंग एजन्सी कडल्यान 'गुंतवणूक ग्रेड' रेटिंग मेळोवचें पडटा

STORY

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या दोन दिसांत देशांतल्या मध्य, ईशान्य आनी दक्षिण वाठारांनी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची orange अलर्ट जारी केला. हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण फुडले 7 दीस राजस्थान, उत्तर प्रदेश, उदेंत आनी ईशान्य भारताचेर काय सुवातीनी व्हड पावस चालू उरतलो. तमिळनाडू, रायलसीमा, केरळ आनी ईशान्य भारता खातीर ऑरेंज अलर्ट जारी केला अशें आकाशवाणी कडेन उलयतना भारतीय हवामान खात्याचे वरिश्ठ शास्त्रज्ञ आरके जेनामनी हांणी सांगलें.

STORY

फ्रंचायजी आदारित टी-20 सर्त बिग क्रिकेट लीग (बीसीएल) जी उदैत्या थळाव्या खेळगड्यांक नामनेच्या क्रिकेट खेळगाड्यावांगडा वांगडा खेळपाची संद दितली तांणी राष्ट्रीय प्रसारक प्रसार भारती हांचे वांगडा एक म्हत्वाची दीर्घकाळ कबलात केल्या बीसीएलची उक्तावणाची आवृत्ती अंदू सप्टेंबरांत लखनौ शारांत जातली.

डीडी स्पोर्ट्स बीसीएल देशभरात लायव्ह प्रसारण करतले, आनी प्रसार भारतीय आपल्या नेटवर्कातल्यान लीगाचो प्रचार करतली. बिग क्रिकेट लीगचो पयलो हंगाम आंतरराष्ट्रीय पांवड्यार 30 परस चड देशांनी दूरचित्रवाणीचेर प्रसारीत जातलो. हातूंत अवध लायन्स, नॉर्दन चॅलेंजर्स, राजस्थान किंग्स, मुंबय मॅरिन्स, सदर्न स्पार्टन, आनी बंगाल रायनो अशे स पंगड आसतले.

भारताचो आदलो कर्णधार आनी लीग कमिशनर दिलीप वेंगसरकर हांच्या फुडारपणा खाला नामनेच्या आदल्या क्रिकेट खेळगड्यांची काउन्सिल लीगाचेर देखरेख दवरतली. आदलो भारतीय वेगवान गोलंदाज रुद्र प्रताप सिंग अध्यक्ष आनी वेस्ट इंडिजचो वेगवान गोलंदाज कर्टनी वाल्श बीसीएलाचे उपाध्यक्ष आसात.